## धार्मिक पर्यटनाक उर्बा दिवपाची गरज- मुख्यमंत्री

ता. 17 नोव्हेंबर 2021

गोंयांत अनेक देवळां, चर्चीं आनी इतिहासीक वारसा स्थळां आसून अशां स्थळांच्या वांठारांनी धार्मिक आनी अध्यात्मिक पर्यटनाक उर्बा दिवपाची गरज आसा, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज दोनापावला हांगाच्या इंटरनॅशनल सेंटरांत आयोजीत आर्या इडीगा राष्ट्रीय म्हामंडलीच्या राष्ट्रीय निवडक प्रतिनिधींच्या बसकेत मुखेल सोयरे म्हुण उलयताना सांगलें.

केंद्रीय पर्यटन राज्यमंत्री श्री. श्रीपाद नाईक, कर्नाटकाचे समाज कल्याण मंत्री श्री. श्रीनिवास पुजारी, आर्या इडीगा राष्ट्रीय म्हामंडलीचे राष्ट्रीय अध्यक्ष डॉ. श्री श्री श्री प्रणवानंद स्वामीजी, आदले मंत्री आनी आर्या इडीगा समाजाचे ज्येश्ठ फुडारी श्री. मलीकय्या गुट्टेदार आनी हेर मानेस्त बसकेक उपस्थित आशिल्ले.

फुडें उलयतना डॉ. सावंत हांणी आर्या इडीगा राष्ट्रीय म्हामंडलीच्या वतीन देशभरांत आयोजीत करपात येवपी शिक्षणीक आनी हेर विंगड विंगड कार्यक्रमांची तोखणाय करून गोंयात खाजगी विद्यापीठ सुरू करपाचे आसल्यार संस्थेक आवश्यक मदत दिवपात येतली, अशें तांणी सांगले.

केंद्रीय पर्यटन राज्यमंत्री श्री. श्रीपाद नाईक हांणी कर्नाटकात ब्रम्हाश्री नारायण गुरूचो पुतळो उबारपाक सहकार्य करपाचे उतर दिले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/963

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji